14th October 2026 8.40am

नमस्कार! आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागावरवी मनाली प्रभुगावकर तुमका राष्ट्रीय खबरो दिता.

## मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज एका खासा व्हिडिओ संदेशावरवी, नवी दिल्लीत 'बृहत्तर भारत' ह्या आंतरराष्ट्रीय परिषदेक, संबोधित करतले.

- बिहारांत काल रातीं, वैशाली जिल्ह्यांतल्या राघोपूर वाठारांत, बोट उमथून 13 जाणांक मरण आयलें.

- बिमस्टेक देशांनी आतंकवाद आनी शिमेभायर आतंकवाद सयत, सगळ्या प्रकारांनी आतंकवादाक फावो अशा हिंसक अतिरेकाचो, खर निशेध केला.

- भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदी चलतल्या, ५ टी-20 आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेतलो चौथो खेळ, आयज हैदराबादात जातलो.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयात उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला.

## आता पुराय खबरो

पीएम बृहत्तर भारत - 60

आयजसावन नवी दिल्लीत 'बृहत्तर भारत: संवसारभरातले भारताचे सांस्कृतिक संबंध' हे विषयावेल्या आंतरराष्ट्रीय परिषदेचे आयोजन, संस्कृती मंत्रालयान केला. तीन दिस चलपी ह्या परिषदेत ५० देशांतले प्रतिनिधी, राजदूत आनी अभ्यासक एकठाय येवन, भारताचे हेर संवसाराकडेन आशिल्ले इतिहासिक आनी समकालीन सांस्कृतिक संबंध हांचेर चर्चा करतले. हे वेळार प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी एका खासा व्हिडिओ संदेशावरवी, उपस्थितांकडेन संवाद सादतले.

PM Mark Carney - 100

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी ताचे कॅनडियन समकक्ष मार्क कार्नी हांणी, द्विपक्षीय संबंदांतल्या सकारात्मक गतीचेर उबारणी करपाक आनी रणनिती भागीदारीच्या मुखेल वाठारांनी ठोस परिणामां खातीर वावुरपाक मान्यताय दिल्या. ह्या वाठारांनी वेपार, उर्जा, तंत्रगिन्यान, सुरक्षा आनी लोकांमदले संबंद हांचो आस्पाव जाता. दोनूय फुडाऱ्यांनी फोनाचेर संवाद सादलो. मजगतीं, कॅनडाची विदेश वेव्हार मंत्री अनिता आनंद काल सांजे दोन दिसांच्या, भारत भेटीचेर नवी दिल्ली पावल्यो. ह्या भेटी वेळार त्यो आयज विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर आनी कुशळटाय विकास आनी उद्देजकता मंत्री जयंत चौधरी हांची भेट घेतल्यो.

BIMSTEC Amit Shah - 80

नवी दिल्लीत 'Bay of Bengal Initiative, for Multi-Sectoral Technical and Economic Cooperation' (बिमस्टेक) च्या गृहमंत्री स्तरावेल्या पयल्या बसकेचे आयोजन भारत करता. हे वेळार उलयताना केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा हांणी म्हणले की, प्रादेशिक एकात्मता, आर्थिक सहकार्य आणि सामूहिक सुरक्षे खातीर 'बिमस्टेक' ही एक महत्त्वाची माची म्हण उदेल्या.

बिमस्टेक Ends - 60

दिल्ली घोशणापत्र आपणावन, नवी दिल्लींत बिमस्टेकाची पयली गृहमंत्र्यांची बसका सोंपली. घोशणापत्रांत बिमस्टेक राश्ट्रांनी आतंकवाद आनी शिमेभायर आतंकवाद सयत, सगळ्या प्रकारांनी आतंकवादाक फावो अशा हिंसक अतिरेकाचो, खर निशेध केला. घोशणापत्रांत बिमस्टेक राश्ट्रांनी संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या सनदी आनी आंतरराश्ट्रीय कायद्या प्रमाण आतंकवाद आनी आतंकवादाक फावो असो हिंसक अतिरेक, व्यापक पद्दतीन आडावपाचो आनी ना करपाचो आपलो निर्धार परतून सांगला.

बिहार Boat अपघात - 120

बिहारांत काल रातीं, वैशाली जिल्ह्यांतल्या राघोपूर दियारा वाठारांत, बोट पलटून 13 जाणांक मरण आयलें. राघोपूरांतल्या गंगा न्हंयेत बोट पलटून, 13 जाणांक मरण आयलें, जाल्यार ६ जाणांक वाचोपाक यश मिळले, अशें वैशाली जिल्लो दंडाधिकारी, वर्षा सिंग हाणी खबरकारांक सांगलें. मरण आयिल्ल्या मदी, चडशे अल्पवयीन आसून ते बोटींतल्यान, फेस्ताक हाजीर रावपा खातीर प्रवास करताले. बोटीचेर सुमार 15 ते 20 लोक आशिल्ले. आनीक सात जाणांक बरे उपचारा खातीर, दुसरे हॉस्पिटलांत धाडल्यात. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी दरेका मरण आयिल्ल्याच्या, लागींच्या नात्यांतल्या लोकांक, 2 लाख रुपया आनी दरेका जखमींक 50 हजार रुपया मजत दिवपाची घोशणा केली. मुख्यमंत्री सम्राट चौधरी हाणी हे घडणुकेंविशी दुःख उक्तायला. आनी दरेका मरण आयिल्ल्याच्या, लागींच्या लोकांक, 4 लाख रुपया मजत दिवपाची घोशणा केल्या.

पीएम सेवा अभियान आयुष्मान भारत - 220

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवेचो मंत्र आणि अविरत कटिबद्धता सांबाळत, भौशिक सेवेची २५ वर्सां पूराय केल्यात. 'सेवा' आणि 'सुशासन' या दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मेरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक, अविरत प्रयत्नशील आसा. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमान, ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत 'आयुष्मान भारत येवजणे'च्या माध्यमातल्यान, ही दूरदृष्टी कशा तरेन कृतीत हाडली, हाचे एक उदाहरण, आम्ही तुमच्या मुखार मांडता. 2018 वर्सा सुरू जाल्ल्या, आयुष्मान भारत ह्या येवजणेक लागून, आता गरिबी आनी भलायकी जतनाय हांचे मदलें समीकरण बदलला. गंभीर दुयेंस जालें जाल्यार, आतां उपचार आनी अर्थीक बाजू हांचे मदीं निवड करपाची,

गरज पड ना. दर कुटुंबाक वर्सुकी 5 लाख रुपया मेरेनचे कॅशलेस संरक्षण दिवपी ही येवजण, भारतातल्या सगळ्यांत गरीब 40 टक्के लोकसंख्येक लक्ष्य करता आनी तिची व्याप्ती सेगीत वाडत आसा. जून 2026 मेरेन, ह्या येवजणेन 37 हजार 413 भौशीक आनी खाजगी हॉस्पिटलानी, 1 पूज्य 92 लाख कोटी रुपया मोलाची, 12 पूज्य 69 कोटी दुयेतीची, हॉस्पिटलांत दाखल करपाची प्रक्रिया पुराय केल्या. ह्या येवजणेचो बायलांचेर जाल्लो प्रभाव बेसबरो आसा. एकूण आयुष्मान कार्डधारका मधली, सुमार 49 टक्के आनी हॉस्पिटलांत अधिकृत दाखल जावप्या मदी, सुमार 48 टक्के बायलांचो आस्पाव जाता. ह्या येवजणेचो विस्तार करून, समाजीक-आर्थीक स्थितीचो विचार करिनासतना, 4 पूज्य 5 कोटी कुटुंबांतल्या 70 वर्सां आनी ताचे वयर पिरायेच्या, 6 कोटी ज्येश्ठ नागरिकांक ह्या येवजणेत आस्पावित करून घेतल्यात.

PM Blumburg - 160

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीनी सांगला, की केंद्र सरकारान आपल्या प्रशासकीय दृष्टिकोनात आणि कार्य संस्कृतीत 'सक्षमीकरणा खातीर अधिकार' हे तत्त्व स्वीकारला. नवी दिल्लीत आयोजित 'ब्लूम-बर्ग न्यू इकॉनॉमी' फोरमात उलयताना प्रधानमंत्री मोदी हाणी म्हणाले की, भारताची प्रगती ही सामूहिक विकास आणि सगळ्यांक समान संद हाचेर आधारित आसा. भारत देश लोकशायेची आवय, अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हळे.

जागतिक अनिश्चिततेच्या वातावरणातय, भारताची आर्थिक प्रगती एका भक्कम मुळार जाता. चालू आर्थिक वर्षाच्या पयल्या तिमाहीत, जीडीपी वाढीचो दर ७ पूज्य ८ टक्के उरला, अशे तांणी सांगले. भारताची 'सुधारणांची एक्सप्रेस' वेगान मुखार वता, अशेय प्रधान मंत्री मोदीनी म्हळे

Jaishankar China Blumberg - 50

भारत आनी चीन हांचे मदीं सामान्य संबंद दवरपा खातीर, शिमेचेर शांतताय आनी स्थिरताय म्हत्वाची आसा, हांचेर विदेश वेव्हार मंत्री डॉ. एस जयशंकर हांणी भर दिलो. काल नवी दिल्लींतल्या ब्लूम-बर्ग न्यू इकोनॉमी फोरमांत उलयतना तांणी सांगलें की, शिमेवयल्या वाठारांनी शांतताय खंडीत जाल्यार, ह्या संबंदाचे परिणाम जातलो.

क्रिकेट - 80

भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदी चलतल्या, ५ टी-20 आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळातलो चौथो खेळ, आयज हैदराबादातल्या राजीव गांधी आंतरराष्ट्रीय क्रिकेट स्टेडियमार जातलो. हो खेळ सांजे सात वराचेर सुरू जातलो. आयतारा इंदूरात जाल्ल्या, तीसरे टी-20 खेळात भारतान १४ धावंड्यांनी जैत मेळयल्ले. भारतान हे खेळामाळेत 2 आड1 अशीं आघाडी घेतल्या.

बॅडमिंटन -

भारताचे बॅडमिंटन खेळगडे तन्वी शर्मा आनी किदाम्बी श्रीकांत हांणी 'डेन्मार्क ओपन २०२६' सर्तींत, तांच्या पयल्या खेळात जैत मेळोवन, दुसऱ्या फेरीयेत पावल घाले. तन्वीन जपानच्या नात्सुकी निदा-इराक २ आड १ अशें हारयले.

हवामान - 50

भारतीय हवामान खात्यान आयज जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल वाठारांत, घोग्यांनी पावस पडपाचो अदमास उक्तायला. आयज दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयात उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला.

आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतुन एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज एका खासा व्हिडिओ संदेशावरवी, नवी दिल्लीत 'बृहत्तर भारत' ह्या आंतरराष्ट्रीय परिषदेक, संबोधित करतले.

- बिहारांत काल रातीं, वैशाली जिल्ह्यांतल्या राघोपूर वाठारांत, बोट उमथून 13 जाणांक मरण आयलें.

- बिमस्टेक देशांनी आतंकवाद आनी शिमेभायर आतंकवाद सयत, सगळ्या प्रकारांनी आतंकवादाक फावो अशा हिंसक अतिरेकाचो, खर निशेध केला.

- भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदी चलतल्या, ५ टी-20 आंतरराश्ट्रीय क्रिकेट खेळामाळेतलो चौथो खेळ, आयज हैदराबादात जातलो.

- भारतीय हवामान खात्यान आयज दर्यादेगेवेलो कर्नाटक, कोंकण आनी गोंयात उश्ण आनी दमट हवामानाचो अदमास उक्तायला.

इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो. आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागाचे, मुखावेले राष्ट्रीय खबरापत्र तुमका आयकुपाक मेळटले, आयज सांजे ६ वरा जावन ३० मिनटांचेर. नमस्कार!